**युनायटेड क्लब ऑफ उतोर्डाक राज्य युवा पुरस्कार**

ता.  4 ऑक्टोबर 2021

आयज पर्वरे सचिवालयांत खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान आयोजीत कार्यक्रमात उपमुख्यमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर हांचे हस्तुकीं युनायटेड क्लब ऑफ उतोर्डाक 2018-19 वर्सा खातीरचो राज्य युवा पुरस्कार भेटयलो.

खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयाचे संचालक श्री. मेकला चैतन्या प्रसाद आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार उलयताना उपमुख्यमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर हांणी उतोर्डा युनायटेड क्लबांच्या  वांगड्यांचे अभिनंदन करून भुरग्यांक खेळांनी प्रोत्साहन दिवपा खातीर राज्यांतल्या खेळां क्लबांनी भुरग्यांक प्रशिक्षण दिवपा वांगडाच वेगवेगळ्यो सर्तीं आयोजीत करपाची गरज उक्तायली.

उतोर्डा युनायटेड क्लबाचे आदले अध्यक्ष रेमी पेरेरा, वांगडी त्रिनिदाद फर्नांडिस, एन्थनी फर्नांडिस आनी आताचेअध्यक्ष आग्नेलो पेररा हांणी पुरस्कार स्विकारलो.

उतोर्डा युनायटेड क्लब खेळां सयत विंगड विंगड सास्कृतिक आनी सामाजीक कार्यक्रमांचे आयोजन करता, जातूंत संगीत वर्ग, रक्तदान शिबीर, नितळसाण मोहिम, स्तन कर्करोग निदान जागृताय शिबीर आनी हेर कार्यक्रमांचो आस्पाव आसा. क्लबाचे वैजकी सुविधा केंद्रय आसा. क्लब गरीब आनी गरजू दुयेंतीक हॉस्पिटल बॅड्स, व्हिलचेर, नेब्युलायजर, ऑक्सिजन सिलिंडर आनी हेर सुविधा दिता. क्लबाचो नाबार्डाकडेन रजिस्टर केल्लो शेतकांर क्लब आसा. क्लबाचे अनेक खेळगडे राज्याचे आनी देशाचे प्रतिनिधित्व करता.

सुरवातीक खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयाचे संचालक श्री. मेकला चैतन्या प्रसाद हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. लिजेट कामरा हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/824

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji